# घांट वाजली

लेखक - पॅट हचिन्स

अणकार – अंकिता झांबावलीकार



# घांट वाजली

लेखक - पॅट हचिन्स


अणकार – अंकिता झांबावलीकार



“हांवें चायेक थोड्यो बिस्कुत्यो केल्यात," मांन म्हणलें.

“बरें गे," विक्टोरिया आनी सॅमान म्हणलें. “आमच्या पोटांत कावळे रडटात."

"तुमी त्यो बिस्कुत्यो वांटून खायात," मांन सांगलें, “हांवें खूब केल्यात."



“दर एकल्याक स मेळटल्यो," सॅम आनी विक्टोरियान म्हणलें.

“ह्यो आजयेच्या बिस्कुत्या भशेन बऱ्यो दिसतात," विक्टोरियान म्हणलें.

“आजयेच्या बिस्कुत्या भाशेन हांकांय बरो वास येता," सॅमान म्हणलें.

“आजये भाशेन बिस्कुत्यो कोणाकूच करूंक येनात," मांन म्हणलें आनी तेन्नाच दाराची घांट वाजली.



शेजारचीं टॉम आनी हॅना आयिल्लीं.

“यो भितर यो," मांन म्हणलें.

“तुमी सगळीं ह्यो बिस्कुत्यो वांटून खावंक शकतात."



“दर एकल्याक तीन बिस्कुत्यो मेळटल्यो," सॅम आनी विक्टोरियान म्हणलें.
"तुमचे आजयेच्या बिस्कुत्या भाशेन हांकांय बरो वास येता," टॉमान म्हणलें.

"आनी त्यो पळोवपाकूय बऱ्यो दिसतात," हॅनान म्हणलें.


"आजये भाशेन बिस्कुत्यो कोणाकूच करूंक येनात,"
मांन म्हणलें आनी तेन्नाच परत दाराची घांट वाजली.



भायर पिटर आनी ताचो धाकटो भाव आयिल्लो.

“यो भितर यो," मांन म्हणलें.

"तुमी सगळीं ह्यो बिस्कुत्यो वांटून खावंक शकतात."



"दर एकल्याक दोन बिस्कुत्यो मेळटल्यो," विक्टोरिया आनी सॅम हांणी म्हणलें.


"तुमचे आजयेच्या बिस्कुत्या भाशेन ह्योय बऱ्यो दिसतात," पिटरान म्हणलें. "आनी हांचो वासूय बरो येता."

"आजये भाशेन बिस्कुत्यो कोणाकूच करूंक येनात," मांन म्हणलें आनी परत दाराची घांट वाजली.



भायर जॉय आनी सायमन
आपल्या चार चुलत्यां वांगडा
आयिल्लीं.

“भितर येयात," मांन म्हणलें.
"तुमी सगळीं ह्यो बिस्कुत्यो वांटून खावंक
शकतात."



"दर एकल्याक एक बिस्कूत मेळटली," सॅम आनी विक्टोरियान म्हणलें.
"तुमचे आजयेच्या बिस्कुत्या भाशेन हांकांय बरो वास येता," जॉयान म्हणलें.
"आनी त्यो पळोवपाकूय बऱ्यो दिसतात," सायमनान म्हणलें.

"आजये भाशेन बिस्कुत्यो कोणाकूच करूंक येनात," मांन म्हणलें आनी परत एकदां दाराची घांट वाजली.



घांट परत वाजली.



“आय देवा," मांन म्हणलें आनी भुरगीं आपल्या ताटांतल्या बिस्कुत्यांक एकटक पळयत रावलीं.



“दार उक्तें करचे पयलीं, तुमी त्यो बिस्कुत्यो खाल्ल्यार बरें."
“आमी रावतात," सॅमान म्हणलें.



भायर आजी, बिस्कुत्यांची एक व्हड परात घेवन आयिल्ली.

“खूब बरें दिसलें, बिस्कुत्यो मेळून खावपाक इतले इश्ट आसात," आजयेन म्हणलें.

“बरें जालें, हांवें खूब केल्यात!"



"आजये भाशेन बिस्कुत्यो कोणाकूच करूंक येनात,"
मांन म्हणलें आनी परत एकदां दाराची घांट वाजली.

